# दिव्यांग विद्यार्थ्यांखातीर शिश्यवृत्ती आनी विद्यावेतन

ता. 11 जुलय 2018
20 आषाढ 1940

वेगवेगळया शाळा, महाविद्यालया आनी संस्थांनी शिकपी दिव्यांग विद्यार्थ्यांक विद्यावेतन आनी शिश्यवृत्ती दिवपाखातीर समाज कल्याण खात्यावतीन कल्याणकारी येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता.

पयली ते आठवी इयत्तेच्या विद्यार्थ्यांक म्हयन्याक 200/- रूपया प्रमाण 11 म्हयन्याखातीर विद्यावेतन दितात. 9 वी ते 12 वी वा विद्यापीठ अभ्यासक्रमानुसार तत्सम इयत्तेच्या डे-स्कॉलर विद्यार्थ्यांक म्हयन्याक 500/- रूपया, हॉस्टेलात रावप्याक म्हयन्याक 200/- रूपया प्रमाण 11 म्हयन्याखातीर शिश्यवृत्ती आनी अंध विद्यार्थ्यांक म्हयन्याक 75/- रूपया प्रमाण 11 म्हयन्याखातीर रिडर भत्तो दितात.

बी.ए.,बी.कॉम, बी.एससी आदी इयत्तेच्या डे-स्कॉलर विद्यार्थ्यांक म्हयन्याक 650/- रूपया, हॉस्टेलात रावप्याक म्हयन्याक 270/-रूपया प्रमाण 11 म्हयन्याखातीर शिश्यवृत्ती आनी अंध विद्यार्थ्याक म्हयन्याक 115/- रूपया प्रमाण 11 म्हयन्याखातीर रिडर भत्तो दितात.

बी.ई., बी.आर्क, एमबीबीएस, एलएलबी, बी.एड. वेवसायिक पदविका, अभियांत्रिकी अभ्यासक्रम आनी एमए, एमएससी, एम.कॉम, एलएलएम, एम.एड च्या डे-स्कॉलर विद्यार्थ्याक म्हयन्याक 900/- रूपया, हॉस्टेलात रावप्याक म्हयन्याक 360/-रूपया प्रमाण 11 म्हयन्याखातीर शिश्यवृत्ती आनी अंध विद्यार्थ्यांक म्हयन्याक 150/- रूपया प्रमाण 11 म्हयन्याखातीर रिडर भत्तो दितात.

वैजकीय मंडळाच्या दाखल्याप्रमाण कमीत कमी 40 टक्के आनी त्यापरस चड टक्के अपंगूळ आशिल्ले. पयलीच्या वर्सूकी परीक्षेत कमीत कमी 40 टक्के आनी त्यापरस चड टक्के गुण घेतिल्ले, पालकांची वर्सूकी येणावळ 1,50,000/- रूपया परस चड नाशिल्ले आनी समाज कल्याण खात्याचे वळखपत्र आशिल्ले विद्यार्थी हया येवजणेखातीर पात्र आसात.

मान्यताप्राप्त शिक्षण मंडळ वा विद्यापिठाच्या संगीत आनी वेवसायिक अभ्यासक्रमाचे शिक्षण घेवप्याकय शिश्यवृत्ती दितात. अर्ज आनी चड माहितीखातीर ता. 15 जुलय 2018 सावन कामाचो दीस आनी वेळेत समाज कल्याण संचालनालय, 18 जून मार्ग, पणजी हांगा संपर्क करचो. शिश्यवृत्ती आनी विद्यावेतनाचे अर्ज ता. 30 सप्टेंबर 2018 मेरेन संबंदीत शाळां,

महाविद्यालयां, संस्थां प्रमुखाच्या शिफारसीसयत संचालनालयाच्या कार्यालियाता सुपूर्द करपाक जाय. येवजणेविशी कसलीय चवकशी करपाचे आसल्यार पालवी संचालक (डब्ल्यूडीए) फोन नं. 0832-2232257, 2223784, फॅक्स नं. (0832-2228172), ई मेल - socialwelfaregoa@rediffmail.com हांगा संपर्क करचो.